आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरो

Date :26 /04/2025 7.20 p m

मुखेल खबरो

देशातले तरणाटे राष्ट्रनिर्माणे सक्रियपणंन वांटो घेतात तेन्नाच राष्ट्राची नेटान उदरगत जाता आनी देशांची तांक संवसाराक दिष्टी पडता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां

नव्यान नेमिल्ल्या सरकारी कर्मचाऱ्यांनी राष्ट्रीय सेवा करून देशाचे उदरगतींत योगदान दिवचें. राष्ट्राची सेवा आनी लोकसेवा करप हें तांचें मुखेल कर्तव्य अशें मत केंद्रीय वीज राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी उक्तायलें.

पहलगाम हल्ल्या उपरांत म्हत्वाच्या भौशिक सुवातींनी पुलीस बंदोबस्त वाडयलां.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले.

-------------

देशातले तरणाटे राष्ट्रनिर्माणे सक्रियपणंन वांटो घेतात तेन्नाच राष्ट्राची नेटान उदरगत जाता आनी देशांची तांक संवसाराक दिष्टी पडता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां . ताणी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवी वेगवेगळया सरकारी खाति आनी संघटनांनी नव्यान नेमणूक केल्या 51 हजारां वयर तरणाट्यांक नेमणूक पत्रां भेटायली . सरकारान अर्थसंकल्पांत उत्पादन अभियानाची घोषणा केल्या ताचो हेतू 'मेक इन इंडिया'चो प्रसार करप आनी देशांतल्या तरणाट्यांक संवसारीक पांवड्यावेलीं उत्पादनां तयार करपाची संद दिवप असो आसा अशें तांणी सांगलें. हाकालागून लाखांनी सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्देजकांक चालना मेळटली,तशेच देशात रोजगाराच्यो नव्या संदी मेळटल्यो. देशाचे उदरगतीत बायलांचें मोलादीक योगदान आसा नोकरि , अंतरिक्ष आनी विज्ञान ह्या मळार देशांतल्यो बायलो नव्या उंचायेर पावल्यात अशें तांणी म्हळा .सरकार गांवगिऱ्या बायलांच्या सशक्तीकरणाचेरूय लक्ष केंद्रीत करता अशें सांगलें. तशेंच 1 मे ते 4 मे मजगत मुंबयंत जावपी वेव्स परिशदेचोय उल्लेख

तांणी केलो . ही परिशद डिजिटल सामुग्री क्षेत्राच्या फुडाराक नवी दिका दितली असो विस्वास तांणी हे वेळार उक्तायलो. देशभरांतल्या 47 सुवातींनी आयज रोजगार मेळावो आयोजीत केलो

नव्यान नेमिल्ल्या सरकारी कर्मचाऱ्यांनी राष्ट्रीय सेवा करून देशाचे उदरगतींत योगदान दिवचें. राष्ट्राची सेवा आनी लोकसेवा करप हें तांचें मुखेल कर्तव्य अशें मत केंद्रीय वीज राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी उक्तायलें. शेनवारा केंद्रीय रोजगार मेळाव्याच्या पंदराव्या टप्प्या खाला पणजेंत 47 जाणांक नेमणूक पत्रां वांटपाची कार्यावळ जाली. ह्या वेळार ते उलयताले. ह्या वेळार अबकारी आयुक्त सुधीर देशमुख, जीएसटी आयुक्त बिपिन कुमार उपाध्याय आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीन विकसीत भारताचें सपन पळयलां. ते खातीर तरणाट्यांक सशक्त आनी आत्मनिर्भर करप गरजेचें आसा. हाकाच लागून आयज देशभरांतल्या 51 हजार तरणाट्यांक रोजगार नेमणूक पत्रां दिल्यांत. हीं पत्रां मेळपी तरणाट्यांनी मेळिल्ली नोकरी लोकांचे सेवे खातीर आसा अशी समजूत घेवन वावुरपाची अपेक्षा आसा, अशे नायक हांणी सांगलें.

लोकांचो विस्वास मेळोवपा खातीर प्रामाणीकपणान, समर्पण आनी नम्रतायेन वावुरचें अशें तांणी म्हणलें. सध्या संवसार नेटान बदलत आसा. काळाप्रमाण आपली कुशळटाय, तांक आदी अपडेट करप गरजेचें आसा. शिकपाची प्रक्रिया चालू दवरल्यार फुडाराक कर्मचाऱ्यांक आनी देशाक ताचो फायदो जातलो. आयकर, अबकारी खातें, भारतीय रेल्वे, स्टेट बँक ऑफ इंडिया, टपाल आनी हेर केंद्रीय खात्यांत भरती करपा खातीर परिक्षा येसस्वीपणान पास जाल्ल्या कर्मचाऱ्यांक नेमणूक पत्रां दिल्यांत. आयज देशभरांतल्या 51 हजार तरणाट्यांक आत्मनिर्भर केलां. कर्मचाऱ्यांनी शिस्तींत काम करून देशाची सेवा करची अशें सुधीर देशमुख हांणी सांगलें.

---

AI Reply

---

कश्मीरात पहलगामत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याची दखल घेवउन सवसारभरातल्या फुडाऱ्यानी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीकडेन संपर्क करून ह्या

हल्ल्याचो निषेध केलो ही घडणुक खूपच दूरदेवी आसा . ह्या हल्ल्यातल्या गुन्यावकारक सोडचे नात तांचेर खर कारवाय जातली अशे आश्वासन प्रधानमंतत्रनी दिले . ह्या हल्ल्याचो केंद्रीय वीज राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी निषेध केला bytes

राष्ट्रीय सुरक्षच्या हेतान आतंकवाद विरोधी कारवाय आनी सुरक्षा दळांच्या हालचालीचे थेट कव्हरेज दाखोवपासून पयस रावपाचो सल्लो म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान सगल्या प्रसार माध्यमांक जारी केला. राश्ट्रीय सुरक्षखातीर माध्यमां, डिजिटल प्लॅटफॉर्म आनी व्यक्ती हांचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें तातूंत म्हळा .

गोंय पुलीस अलर्ट मोडार

पहलगाम हल्ल्या उपरांत म्हत्वाच्या भौशिक सुवातींनी पुलीस बंदोबस्त वाडयलां. पोरण्यां गोंय पुलिसांनी चिंबल, मेरशे आनी सांताक्रूझ वाठारांत व्हड प्रमाणांत सत्यापन मोहीम सुरु केल्या. ह्या कारवायेंत 252 जाणांक ताब्यांत घेतलां, तातुंतल्या 21 जाणांक प्रतिबंधात्मक ताब्यांत दवरल्यात आनी 12 जाणांचेर हेर कायदेशीर कारवाय केल्या.

पर्वरी पुलीस स्टेशनाच्या हद्दींतल्या मॉल दी गोवा काल रातीं पुलीस निरिक्षकांनी मॉलाच्या सुरक्षा रक्षकांक सगल्या सुरक्षा गजालीं विशीं सविस्तर सुचोवण्यो दिल्यो. राज्यांतल्या वेगवेगळया वाठारांनी अशे तरेचे उपक्रम चलताले.

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांणी शुक्रारा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे कडेन फोन करुन चर्चा केली. ते उपरांत मुखेलमंत्र्यान सुरक्षा परिस्थितीचो नियाळ घेवपा खातीर उंचेल्या पांवड्यावेली बसका घेतली. हे बसकेंत मुखेल सचीव, पुलीस महासंचालक, पुलीस अधिकारी, सीआयएसएफ, नौदल, कोस्ट गार्ड, जिल्लोधिकारी आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

ह्या वेळार सुरक्षे खातीर राज्यांत कोम्बिंग ऑपरेशन, अचकीत नाकाबंदी अशें निर्णय घेतले. आतां विमानतळ, रेल्वे स्टेशनां, पर्यटन थळां, बस स्टँण्डाचेर खर सुरक्षा वेवस्था आसतली. सप्तकी

बाजारांतल्या विक्रेत्यांची तपासणी जातली. तांणी आपलें वळखपत्र आपल्या कडेन दवरप गरजेचें आसा. राज्यांत 856 ट्रॉलर आनी 1,206 बोटी आसात. तशेंच ट्रॉलर आनी बोटींतल्या कामगारांक बायोमेट्रीक कार्ड दिवन तांचेर नियंत्रण दवरपाचो प्रस्ताव आसा.

सुशांत

पेहालगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत पुराय देशात भायल्या स्थलांतरीतांची तपासणी चालू जाल्ली आसा. हे फाटभुंयेचेर आयज दक्षिण गोंय पुलिसांनी बेकायदेशीर रितीन रावपी लोकांची तपासणी करपाची मोहीम सुरू केल्या. मडगावच्या मालभाट वाठारांतल्या झोपडपट्ट्यांची पुलिसांनी तपासणी केली. तेन्ना कांय भाडेकार बेकायदेशीर रितीन बांदिल्ल्या झोपड्यांनी रावतात अशें दिसून आयलें. भलायकी खातें आनी वीज खात्याच्या अधिकाऱ्यांनीय ह्या थळाची पळोवणी केली. बेकायदेशीर झोपडपट्टी प्रशासनान मोडून उडोवपाची मागणी मडगांव पुलिसांनी केल्या.

मजगतीं, मडगांवच्या कोंकण रेल्वे पुलीसांनीय अशीच मोहीम हातांत घेतल्या आनी रेल्वे स्टेशनाचेर रावपी दुबावीत प्रवाशांची पुराय तपासणी पुलिसांनी सुरू केल्या.

मडगांवच्या मालभाट वाठारांत मडगाव पुलिसांनी भाडेकारांची तपासणी मोहीम हातांत घेतली. ही मोहीम पुलीस निरिक्षक सूरज सामंत हांच्या मार्गदर्शना खाला चालू आसली. दक्षिण गोंय जिल्लो पुलीस अधीक्षकान दिल्ले म्हायती प्रमाण पुलीस खात्या कडल्यान मेळिल्ल्या सुचोवण्यां प्रमाण दक्षिण गोंयांतल्या वेगवेगळ्या पुलीस स्टेशनांच्या मर्यादे भितर रावपी भाड्याच्या घरांनी रावपी लोकांची तपासणी मोहीम सुरू केल्या. जर कुणी अशा सुवातांनी बेकायदेशीर रितीन रावतात अशें दिसून आयले तर तांचेर कारवाय करतले अशें सामंत हांणी सांगलें.

मजगतीं, भलायकी खात्याच्या अधिकाऱ्यांक, वीज खात्याच्या अधिकाऱ्यांक, पालिका निरिक्षकांक घेवनय ही तपासणी केली. ज्या कोणी बेकायदेशीररितीन वीज आनी उदका जा ेडणी घेतल्या तांचेर कारवाय करपाचो आदेश सं ंबंधितांक दिला अशें पोलीस निरीक्षक सूरज सामंत हांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या ‘मन की बात’ कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले. आकाशवाणीच्या म्हयन्याळ्या मन की बात’ कार्यावळीचो हो 121 वो भाग आसा . आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, AIR न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, प्रधानमंत्री कार्यालय आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली.

गोंय राज्य जैविक विवीधताय मंडळान जैविक विवीधताय सांबाळ पुरस्कार 2025 खातीर अर्ज मागयल्यात. जैविक विवीधताय सांबाळ पुरस्कार पाच वर्गांनी दितात. जैविक विवीधताय वेवस्थापन समिती- उत्तर आनी दक्षीण गोंय दरेकी एक, जैविक विवीधताय सांबाळ वैयक्तीक वर्ग- उत्तर आनी दक्षीण गोंय दरेकी एक, जैविक विवीधताय संशोधन क्षेत्र- एक पुरस्कार, जैविक विवीधताय उमेदी पुरस्कार- जैविक विवीधताय वाटोवप आनी पुर्नस्थापना आनी संबंदीत क्षेत्रांतलो वावर-एक पुरस्कार आनी हरीत पत्रकार-एक, अशां वर्गांत पुरस्कार दितात.

नामांकन अर्ज मंडळाच्या goanbiodiversity@gmail.com ह्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसून ते भरून गोंय राज्य जैविक विवीधताय मंडळ, साळगांव सेमिनारी सामकार, साळगांव बार्देस हांगा सुपुर्द करचे वा goanbiodiversity@gmail.com वा goagsbb@gov.in चेर ई-मेल करचे.

नामांकन अर्ज स्विकारपाची निमाणी तारीख 16 मे 2025 आसून निमण्या दिसा सांजेची 4.30 मेरेन अर्ज गोंय राज्य जैविक विवीधताय मंडळाच्या कार्यालयांत पावपाक जाय.

चड म्हायती खातीर https://gsbb.goa.gov.in/ ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची.

फोंडेच्या शारदा ग्रंथ प्रसारक संस्थेचो ओंदूचो साहित्य पुरस्कार प्रदान सुवाळो आयतारा २७ एप्रिलाक जातलो. थ्रिफ्ट सोसायटी सभाघर, फोंडा हांगा सकाळी साडेणवांक सुरू जावपी ह्या सुवाळयाक ज्येष्ठ गोमंतकीय साहित्यिक प्रा. डॉ. अरूण हेबळेकर मुखेल सोयरे म्हूण हाजिर रावतले. ह्या वर्साचो कै.माधवी देसाई स्मृती शारदा साहित्य सन्मान पुरस्कार अंजली आमोणकर, पणजी हांका फावो जाला. हेर शारदा साहित्य पुरस्कारांचे मानकरी अशे आसात.

डॉ. विभा लाड, काणकोण (कादंबरी), मुग्धा शेखर बोरकर, फोंडा (ललित), कविता बोरकर, मडगाव (काव्य), डॉ. रेवा दुभाषी, फोंडा (संकीर्ण), प्रतिभा कारंजकर, फोंडा (प्रवासवर्णन), डॉ. विद्या प्रभूदेसाई, फोंडा (संशोधनपर साहित्य), डॉ. तरुजा भोसले व नंदिनी माजिक, पर्वरी (कथा), चित्रा क्षीरसागर, पणजी व डॉ. नीता तोरणे, मेरशी (संपादित साहित्य), सुरेश भट गझल प्रेरणा पुरस्कार सचिन मणेरीकर, फोंडा बा. भ. बोरकर काव्य प्रेरणा पुरस्कार तृप्ती बांदेकर, डिचोली हांचो हांतुत आसपाव आसा अशी म्हायती फोंडेच्या शारदा ग्रंथ प्रसारक संस्थेचो जाळवणादारांनी दिल्या.

नमस्कार